**ऑनलायन खेळां प्रस्नमंजूषा सर्तीचो निकाल**

ता. 2 सप्टेंबर 2020

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान राष्ट्रीय खेळां दीस आनी हॉकी खेळगडे मेजर ध्यानचंद हांच्या 115 व्या जयंती निमतान ता. 29 ऑगस्ट 2020 दीसा माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळां विद्यार्थ्यांखातीर आयोजीत केल्ल्या ऑनलायन खेळां प्रस्नमंजूषा सर्तीचो निकाल जाहीर केला. ह्या सर्तीत वट्ट 850 विद्यार्थ्यांनी वाटो घेतिल्लो. सर्तीच्या जैतवंतांक खेळां कार्यक्रम सुरू जाले उपरांत खंयच्याय राज्य पांवड्यावयल्या सर्ती वेळार इनामां भेटयतले.

ह्या सर्तीचे जैतवंत अशें- पयले इनाम मेग्दालिन एश्ली कार्वालो, सेंट झेव्हियर उच्च माध्यमीक शाळा, बार्देस, दुसरे इमान्युयल फ्रांसिस डिलिमा, रोझरी उच्च माध्यमीक शाळा, नावेली-साश्ट, तीसरे व्हेलरिनो मिरांडा, पोप जॉन हायस्कुल, केपे, चौथे आर्यन आझाद ओहल, द किंग्स स्कुल, साश्ट, पाचवे रिध्दी रामनाथ शेटगांवकर, सेंट झेव्हियर हायर सेकंडरी स्कुल, बार्देस, सवे रायसा मेरिएट पिंटो, सेंट थॉमस हायर सेकंडरी स्कुल, बार्देस, सातवे अलिसिया तेरेझा पेरेरा, मनोविकास इग्लिश हायस्कुल, साश्ट, आठवे स्वरांगी दिपक गाड, एल. डी. सामंत मेमोरिएल हायस्कुल, बार्देस, णवे सात्विक महाबळेश्वर धैसास, श्री नवदुर्गा विद्यालय, फोंडा आनी धावे अनुष्का एदुआर्दो पेरेरा, छब्बी चिक्स स्प्रिंग व्हॅली हायस्कुल, बार्देस.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/436

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA